12.02.2026 सकाळी 7.25 वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र - प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल, काणकोण, केपेची हॉस्पिटला तशेच उपजिल्हो हॉस्पिटलात दोतोर, नर्सी तशेच हेर कर्मचाऱ्यांची भरती म्हयन्याभीतर करून सादन सुविदा तयार जातल्यो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे फुडारपणा खाला पर्वरी मंत्रालयात काल हॉस्पिटल्यांच्या स्थितीविशी बसका जाली. भलायकी मंत्री विश्वजित राणे, दक्षिण गोंयांतले संबंधीत आमदार आनी भलायकी खात्याचे अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्ले. दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटला सयत काणकोण आनी केपेचे हॉस्पिटल तशेच फोंडेच्या उपजिल्हो हॉस्पिटलातल्या सुविधांचो नियाळ ह्या बसकेत घेतलो. ह्या हॉस्पिटलांनी हेर गरजेच्या सुविदांविशी चर्चा जाली. गावगिऱ्या वाठारांनी बरेच खेपो वेळांत ॲम्बुलन्स पावना. हाचेर उपाय म्हूण ॲम्बुलन्सी वाडोवपाची गरज आसा. सगळ्या सरकारी हॉस्पिटलांच्यो ॲम्बुलन्सी 108 सेवेकडेन जोडटले, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. Byte

आता मानसिक ताण हे फकत जाणट्यांक जावपी दुयेस न्ही, जाल्यार तरणाट्यांक सुध्दा मानसिक ताण येता, तातुंल्यान मानसिक भलायकी इबाडपी दुयेसा जातात, ताका लागुन अश्या दुयेसाचेंर मात करपाक गोंय भलायकी खाते काम करता अशे भलायकी मंत्री विस्वजीत राणे हांणी म्हणला. संगथ ही बिगर सरकारी संघटना आनी गोंय भलायकी खात्याच्या जोडपालवान मानसिक भलायकी घटमुट दवरप महत्वाचे ह्या विशयाचेंर राज्य स्तरीय कार्यावळीचे बांबोळे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्य परीशद घरात आयोजन केल्ले. त्यावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे उलयताले. मानसिक ताणाच्या ह्या दुयेसाचेंर उपचार दिवपाखातीर दोतोर, तशेचं समुपदेशकांचो एक खासा पंगड, अश्या दुयेंतीखातीर कॉल सेंटर यंत्रणा, राज्य सरकारान चालीक लायला. हाका लागपी आनीक प्रशिक्षित मनीसबळ सरकार नेमतले अशे भलायकी मंत्र्यानी ह्यावेळार म्हणला.

साखळेच्या सामुदायिक भलायकी केंद्राखाला वीर्डी साखळी हांगसर आशिल्ल्या उपभलायकी केंद्रात आयज भलायकी शिबिराचे आयोजन केला. सकाळी नऊ ते दनपारा एक वरामजगतीं जावपी या शिबिरात आयुर्वेदिक, होमिओपॅथिक तशेच हेर सर्वसाधारण भलायके संदर्भात सुविधा मिळटल्यो अशें भलायकी केंद्रान कळीत केला.

मांडोवींतल्या नव्या प्रस्तावित कॅसिनोक हरकत घेवपा खातीर पणजेचे लोकानीं बंदर कप्तान खात्याक भेट दिली .मांडोवी न्हंयेंत प्रस्तात्वीत आशिल्ल्या नव्या, व्हडल्या कॅसिनोक लागून समस्या आनीक वाडटल्यो अशें सांगून ह्या पंगडान हेखातीर विरोध केलो. मजगती गर्दी वेवस्थापन उपाय येवजणेचो एक भाग म्हूण खातें बेगीनूच कॅसिनोक भेट दिवपी पर्यटकांचो आकडो पळोवपा खातीर डिजिटल ॲप्लिकेशन सुरू करतलें अशें बंदर कॅप्टन ऑक्टाव्हियो रॉड्रिगीस हाणी सांगलें. बाइट:सीओपी

वाळपयच्या आधुनिक उजो पालावपी केंद्राच्या माध्यमातल्यान गोंय सरकार नव्यो आणि आधुनिक सुविधा उपलब्ध करून दिवपाखातीर यत्न करता. हे फकत फायर स्टेशन नासून ट्रेनिंग इन्स्टिट्यूट म्हण ताचो वापर जातलो. साडेसात कोटींच्या या प्रकल्पाच्या माध्यमातल्यान कसलेय आपत्कालीन परिस्थितीत फायर स्टेशनाचो उपयोग करून घेवपाखातीर सरकार बांदील आसा. वाळपय हो सत्तरी तालुक्यातलो एक भाग आसा. सत्तरी तालुको एक सुंदर आणि सोबीत म्हणून नामनेक पावला. सत्तरीतली जंगलां आनी जंगली संपत्तीचे रक्षण करपाखातीर आम्ही मुखार सरपाक जाय कारण सैमाचो समतोल आणि संवर्धन केल्यार मुखावेल्या पिढीक आमी एक बरी देणगी दिवक शकतले अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायले. सत्तरी तालुक्यातल्या वाळपयत मॉडर्न फायर स्टेशनच्या लोकार्पण सुवाळ्यात ते उलयताले. सत्तरीतल्या दोनूय मतदार संघाच्या उदरगती खातिर वाळपयचो आमदार म्हणून आपुण तशेच पर्या मतदार संघाचे आमदार म्हणून डॉक्टर देविया राणे कटिबद्ध असात अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हाणीं आपल्या उलोवपांत सांगलें.
गोंयच्या पारंपरीक मांड पंगडांची, प्रमाणबद्द नोंदणी करून गोंयच्या पुरातन सांस्कृतीक दायजाचो, सांबाळ करपाक आदार करपाच्या हेता खाला, गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालक मंडळान "गोंयच्या मांड संस्कृतीचें पुनर्जीवन, सांबाळ आनी संरक्षणा

खातीर सरकारी येवजणे खाला, राज्यभरांतल्या मांड पंगडांची नोंदणी करपा खातीर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक मांड पंगडांनी पुराय भरिल्ले आपले अर्ज 20 फेब्रुवारी मेरेन कला आनी संस्कृती संचालक मंडळान, संस्कृती भवन, पाटो-पणजे सादर करपाक जाय.